प्रादेशिक खबरो २१.०२.२०२६ @ ७.२५ **AM**

महेश 100

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी गोंयांतल्या एटीआय-ओएनजीसी संकुलांतल्या सागर सेतुक भेट दिवन पळोवणी केली. हालींच केंद्रीय मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी ताचे उक्तावण केले. ओएनजीसीन विकसीत केल्ल्या भारतांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या **5.5** मेगावॅट मायक्रोग्रिड प्रणालीचो एक भाग आशिल्ल्या पवन टर्बाइनच्या स्थापनेचो नियाळ ताणी घेतलो. नितळ उर्जा**,** शाश्वतताय आनी तंत्रीक नवनिर्माणा कडेन आमची वचनबद्धताय हो उपक्रम दर्शयता अशे मुखेलमंत्रांनी म्हणला **bytes 24 sec**

नवीकरणीय आनी पर्यावरणाक जबाबदार उपाय येवजणे कडेन स्थिरपणान मुखार सरताना भारताची उर्जा सुरक्षा घटमूट करपाक योगदान दिवपी ओएनजीसी पंगड आनी कार्यकारी मंडळाच्या यत्नांची ताणी तोखणाय केली. हयावेलार ताणी **OHSSAI** ग्लोबल कॉन्क्लेव उक्तावण करून आनी धावे वर्सुकी एचएसई उत्कृश्टताय आनी ईएसजी ग्लोबल ॲवॉर्ड्स **2025** भेटयले

**Ganesh**80

पणजी म्हापालिका वेंचणुके खातीर मंत्री तशेच आमदार बाबुश मोन्सेरात हांच्या फुडारपणा खाला भारतीय जनता पक्ष पुरस्कृत पॅनेलाच्या उमेदवारांनी उमेदवारी अर्ज भरले. पणजे म्हापालिकेच्या 30 प्रभागां खातीर 11 मार्चाक मतदान जातलें. बाबूश मोन्सेरात आनी उत्पल पर्रीकार हांचे आमी पणजेकार पॅनलामदी लडत जातली. जे उमेदवारांनी वावर केला, तांकाच हे वेंचणुकेत येश मेळटले. लोकांचो विस्वास फकत कामाचेर आसता. पणजीत कॅसिनो बाबुश मोन्सेरात वा रोहित मोन्सेरात हांणी हाडू नात. कॅसिनो नाका म्हूण बाबुश आनी हांवें बरेच खेप विरोध केला. आता कॅसिनोची पाळां खूब खोल गेल्या, अशें उमेदवार उदय मडकयकार हांणी सांगलें.

20

नव्या पाटो पुलाचे दुरुस्तीचें काम काल सावन सुरू जालें. 3 दीस दुरुस्तीचें काम चालू उरतलें . वाहनांची येरादारी दुसरे वटेन वळयल्ल्या

70

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी काल नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपात जाल्ल्या एआय इम्पॅक्ट समिट इंडिया 2026 क  भेट दिवन अत्याधुनीक एआय नवोपक्रमांचे निरीक्षण केलें. तसेच मुख्यमंत्र्यानी मुखेल जागतीक तंत्रज्ञान कंपनीं बांगडा संवाद सादलो आनी शासन घटमूट करपाक, शिक्षण, भलायकी सेवा आनी शेती सुदारपाक, आनी अचूक तपासांतल्यान कायद्याची अंमलबजावणी वाडोवपाक AI उपाय सोदून काडपाचेर  भर दिलो. तशेंच मुख्यमंत्र्यान गोंयांतल्या स्टार्टअपांक भेट दिवन पंगडा कडेन संवाद सादून विद्यार्थ्यांची कुशळटाय वाडवपाविशी भाषाभास केली

50

गोंय दर्याविशीची पांचवी परिशद आज बेतीवेरेच्या नौदल झुजा महाविद्यालयात जातली. संरक्षण राज्यमंत्री संजय सेठ हे परिशदेचो मुखेल सोयरे  आसतले .जाल्यार  नौदलाचो मुखेली एडमिरल दिनेश त्रिपाठी ह्या परिशदेची येजमानकी चलयतले.हि परिशद हिंद म्हासागराच्या वाठारांतल्या सादारण दर्यावेल्या सुरक्षा आव्हानांचेर आनी उदयाक येवपी आनी गतीशील धोके उणे करपाचे मार्गचेर भर दिता.

**Dip** 70

सरकारी तशेंच  खाजगी कामाच्या   सुवातेर बायलांखातीर   सुरक्षीत वातावरण निर्माण करपाक बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान बायलांचो  लैंगिक सतावणूक कायदो, 2013 खाला  SHe बॉक्स   पोर्टल ही   नवी   सुविधा उपलब्ध केल्या.SHe बॉक्स पोर्टल देशभरातल्या बायलांक लैंगिक सतावणूकीच्यो   कागाळीं दाखल   करपा खातीर एक सुविधा आसा. भौशीक वा  खाजगी क्षेत्रात काम करपी बायलो ह्या  पोर्टलाचो वापर करून सोपेपणी ऑनलाइन कागाळीं सादर करूक शकतात. कागाळ करपा खातीर पिडीत बायल आपल्याक सोयिस्कर भाशेचो वापर करपाक शकता.

महेश ४०

वरखंड पंचायतीची  नवी सरपंच म्हणून गौरी जोशलकर बिनविरोध वेंचून आयली जाल्यार देविदास चारी हांणी उपसरपंच म्हणून पदभार स्वीकारलो **byte**

महेश 50

गोंय राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडलान (gscert) गोंयातल्या शासकीय आनी अनुदानित प्राथमिक-माध्यमिक शाळांतील पालक, पालक-शिक्षक संघटनां शाळा वेवस्थापन समित्यांखातीर राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 विशीं तालुका प्रमाण मार्गदर्शन कार्यावळी आयोजित केल्या.

**स्पोर्ट्स 30**

**गोयचे बेस बरे क्रिकेट खेळगडे पूर्वजा वेर्लेकर हाका ताच्या सातत्यपूर्ण फलंदाजीची दखल म्हण येव्पी वरिष्ठ बायला आंतर विभागीय एका दिसाच्या करंडक क्रिकेट सरतीखातीर दक्षिण विभागीय पगडात निवड जाल्या. सरत ५ ते १५ मार्च मजगती बंगळुरुत जातली**

**हवामान 45**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३१.6 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २२. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यत हवामान सुकें आसतले.कायकडे हलके धुके पडू येता अशे वेधशाळेन म्हणला